**एसएससी पुरवणी परीक्षा 15 सप्टेंबराच्यान**

ता. 14 सप्टेंबर 2020

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळा वतीन एसएससी पुरवणी परीक्षा 15 ते 22 सप्टेंबर 2020 मेरेन घेवपात येतली. पुरवणी परीक्षेचे वेळापत्रक मंडळाच्या www.gbshse.gov.in ह्या संकेतथळाचेर उपलब्ध आसा.

सकाळच्या सत्रात 9.30 वरांचेर आनी दनपारच्या सत्रात 2.30 वरांचेर परीक्षा सुरू जातली. उमेदवारांनी परीक्षा केंद्राचेर 30 मिनटां पयली हजर रावपाक जाय. परीक्षेक 30 मिनटां उशिरा पावपी उमेदवरांक परीक्षेक बसपाक अपात्र थारायतले.

उमेदवरांनी वांगडा आपली स्वताची पारदर्शक उदकाची बाटली, मास्क आनी सॅनिटायझर हाडचो. उमेदवारांनी कसलेच इलेक्ट्रॉनिक उपकरण वांगडा हाडचे न्हय. उमेदवारांनी प्रवेश पत्र आनी मुखेल उत्तरपत्रिकेचेर दिल्ल्या सूचनांचे कडकपणान पालन करचे. तशेंच कोवीड महामारीक लागून भलायकीच्या नेमांक पाळो दिवचो.

उमेदवारांनी उत्तरां बरोवपा खातीर फकत निळे बॉल पॅन आनी ड्रॉविंग, डाएग्राम आनि रफ कामाखातीर काळ्या पेन्सिलीचो वापर करचो. उमेदवारांक जेल पॅन वापरपाक मेळचे ना.

परीक्षा राज्यांत 11 केंद्रांचेर जातली. परीक्षेक 750 चले आनी 592 चलयों मेळून 1342 उमेदवार बसतले.

उमेदवारांनी थंडी, खोकली आसत जाल्यार दोतोरा कडल्यान तपासून घेवचे. उमेदवारांनी कसलीय म्हायती जाय आसल्यार संबंदीत परीक्षा केंद्राचे पर्यवेक्षका कडेन वा 8459710171/ 8459710172 ह्या हॅल्पलायन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/463

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA